**प्रादेशीक खबरो 5 जानेवारी 2025 , 7.20 वरां**

प्रधानमंत्री 180

भारत बेगीनूच संवसारातली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था जातलो असो विश्वास प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकीं आयज राजधानी दिल्लींत रेल्वे, मॅट्रो आनी भलायके संबंधीत 12 हजार 200 कोटी रूपयांच्या येवजण्यांचे उक्तावण आनी लोकार्पण जालें. ते निमतान रोहिणी हांगासर जाल्ल्या कार्यावळींत ते संबोधीत करतनां उलयताले.

येता त्या 25 वर्सांनीं भारत विकसीत देश जाल्लो आमकां पळोवंक मेळटलो आनी दिल्लीक ह्या विकसीत देशाची राजधानी म्हणून अदीक विकसीत करपाचो हावेस प्रधानमंत्र्यांनी उक्तायलो.

दिल्ली- गाझियाबाद- मेरठ नमो भारत कॉरिडोराच्या 13 किलोमिटर लांबायेच्या विस्तारीत मार्गाचें उक्तावण करून तांणी दिल्लीक पयल्या नमो भारत रेल्वे गाडयेची भेट दिली.

दिल्ली मॅट्रोच्या चवथ्या पावंड्यार विठाला कुंडली वाठाराचो बुन्यादी फातर प्रधानमंत्र्यांनी बसयलो. दिल्लीतल्या रोहिणी हांगासरल्या केंद्रीय आयुर्वेदीक संशोधन संस्थेच्या नव्या अत्याधुनिक इमारतीच्या कामाचें भुमी पुजन लेगीत तांचे हस्तुकीं जालें. ह्या कार्यावळी पयलीं प्रधानमंत्र्यांनी गाजियाबाद जिल्हयातल्या साहिबाबाद रेल्वे स्थानक ते दिल्लीतल्या न्यू अशोक नगर रेल्वे स्थानका मजगतीं नमो भारत रेल्वेन प्रवासूय केलो. प्रवासा मजगतीं तांच्यांनी शाळेतल्या विद्यार्थ्यांकडेन संवाद साधलो. ह्या माणकुल्या भुरग्यांनी प्रधानमंत्र्यांक कविता म्हणून दाखयल्यो तशेंच स्वता काडिल्लीं चित्रांय भेट दिलीं. ते उपरांत वेगवेगळ्या येवजण्यांचें आनी प्रकल्पाचें उक्तावण, लोकार्पण आनी पायाभरणी प्रधानमंत्र्यां हस्तुकीं जाली.

मंडळ अध्यक्ष निवड

भारतीय जनता पक्षाच्या संघटणात्मक वेंचणुकेचो भाग म्हूण मंडळ अध्यक्षांची निवड सुरू आसा. 7 जानेवारी मेरेन मंडळ अध्यक्षांची निवड पुराय जातली. फेब्रुवारीत नव्या प्रदेश अध्यक्षांची निवड जातली, अशी म्हायती प्रदेश भाजप अध्यक्ष सदानंद शेट तानावडे हांणी दिली.

आयतारा पणजे, कुंभारजुवा, पर्वरी, पर्ये, वाळपय मतदारसंघाच्या मंडळ अध्यक्षांची निवड जाली. शनवारा फातोर्डा, मुरगाव मंडळ अध्यक्षांची निवड जाली. मंडळ अध्यक्षांच्या निवडीक लागून मंत्री, भाजपाचे आमदार आनी कार्यकर्ते आयतारा व्यस्त आशिल्ले. कुंभारजुवे मंडळ अध्यक्षपदार योगेश पिळगावकार, पर्ये मंडळ अध्यक्ष म्हूण श्रीपाद गावस, वाळपय मंडळ अध्यक्ष म्हूण रामा खरवत, शिवोले भाजप मंडळ अध्यक्ष म्हूण मोहित चोपडेकार, पणजी मंडळ अध्यक्ष म्हूण पुंडलीक शेट्ये हांची आयज निवड जाली. मंडळ अध्यक्षांची निवड जाल्या उपरांत जिल्हो अध्यक्षांची निवड जातली. फेब्रुवारीत नव्या प्रदेश अध्यक्षांची निवड जातली. प्रदेश अध्यक्ष पदाखातीर दामू नायक, चंद्रकांत कवळेकार, नरेंद्र सावयकार, आदले मंत्री दयानंद मांद्रेकार, दिलीप परूळेकार, दयानंद सोपटे हांची नावा केंद्रीय फुडाऱ्यांकडेन धाडल्या, अशी म्हायती प्रदेश अध्यक्ष सदानंद शेट तानवाडे हांणी दिली.

गोवा मेडिकल कावंन्सील 85

गोवा मेडिकल कावंन्सीलान बिरेस्तारा एक अधिसुचोवणी जारी केल्या. तांचे कडेन संबंदीत आशिल्ल्या सगळ्या दोतोरांक तांच्या परवान्यांचें ३० दिसां भितर नुतनीकरण करपाचे आदेश दिल्यात. जांच्या परवान्यांची मुजत ३१ डिसेंबर २०२४ दिसा सोंपल्या अश्या दोतोरांक परवान्याचें नुतनीकरण करचें पडटलें. गोवा मेडिकल कावंन्सीलाच्या रजिस्ट्रारान जारी केल्ले अधिसुचवणे प्रमाण,

दिल्ल्या वेळा भितर दोतोर आपल्या मुजत सोंपिल्ल्या परवान्यांचें नुतनीकरण करपाक अपेशी थारल्यार तांची नोंदणी रद्द करतले. गोवा मेडिकल कावन्सील कायदो, १९९१ चे कलम २३ आनी नेम ६१ तशेंच ३१ डिसेंबर दिसा जाल्ले कावन्सीलचे बसकेंत मंजूर जाल्ल्या थारावा प्रमाण ही कारवाय जातली.

पोरूं वर्साचे तुळेंत अंदूं गोंयांत नव्या कर्मचारी भविष्य निधी संघटणेच्या खात्यांचो आंकडो उणो जाला. एप्रील ते ऑक्टोबर 2023 ह्या काळांत गोंयांत वट्ट 47 हजार 346 नवी ईपीएफओ खातीं उक्तीं जालीं.

एप्रील ते ऑक्टोबर 2024 ह्या काळांत गोंयांतल्या नव्या खात्यांचो आंकडो 3,155 उणो जावन 44 हजार 191 जालो. हो डेटा केंद्रीय कामगार खात्याच्या ईपीएफओन जाहीर केला.

एप्रील ते ऑक्टोबर 2024 ह्या काळांत गोंयांत उक्तीं केल्ल्या ईपीएफ खात्यांतल्यान चडांत चड 12 हजार 859 खात्यांचो आंकडो (29.09 टक्के) 18 ते 21 वर्सां पिरायेच्या तरणाट्यांचो आशिल्लो. 22 ते 25 वर्सां पिरायेच्या गटांतल्या तरणाट्यां खातीर 12 हजार 292 (27.81 टक्के) ईपीएफ खातीं उक्तीं जालीं.

हाचे भायर 26 ते 28 वर्सां पिरायेच्या गटांतले 5,822 (13.17 टक्के), 29 ते 35 वर्सां पिरायेच्या गटांतले 7,156 (16.19 टक्के) आनी 35 वर्सां वयर पिरायेच्या गटांतले 5,642 (12.76 टक्के) व्यक्तींची ईपीएफओ खातीं उगडलीं.

ईपीएफओन 2018-19 ते 2024-25 (ऑक्टोबराच्या निमाणे) ह्या काळांतलो आंकडो जाहीर केला. वयल्या काळांत 3 लाख 67 हजार 333 नवे कर्मचारी प्रॉव्हिडंट फंड असोसिएशन खातीं उक्तीं जाल्यांत. हातूंतले 1 लाख 22 हजार 76 म्हळ्यार 33.23 टक्के खातेंधारक 18 ते 21 वर्सां पिरायेच्या तरणाट्यांचे आशिल्ले. 2022-23 वित्तीय वर्सा सगळ्यांत चड 71 हजार 479 ईपीएफ खातीं उक्तीं जाल्यांत.

वास्को – 85

झुआरीनगर हांगा एम. ई. एस. कॉलेजी लागसार सान भुग्यां खातीर तयार केल्ल्या खेळा मैदानाचें उक्तावण पंचायत मंत्री माविन गुदीनो हांचे हस्तुकी शेनवारा राती जालें.

जिल्हा पंचायत फंडातल्यान सुमार ६५ लाख रुपया खर्च करून हो प्रकल्प उबो केला. ह्यावेळार उलयताना मंत्री गुदीनो हाणें म्हळा, की आयच्या तरणी पिळगी आपणालो जास्त वेळ समाज माध्यमान घालयता . तांतुतल्यान तांका भायर काडपाखातीर अशा तरेच्या खेळा मैदानाची गरज आसा अशें मंत्री माविन गुदिनो हाणें म्हळा. राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, झेड पी वांगडी आनिता थोरात हांचीय ह्यावेळार उलोपा जाली.

---